मुखेल खबरो

- पुराय गोयांत आयज  होळयेची परब उमेदीन मनयली'. गोयचे मुखेल मंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी ते नीमतान गोयकारांक पर्बी भेटयल्य त
- न्हंयांचो सांबाळ आनी प्रदुशणाचेर नियंत्रण दवरपा खातीरचे विधेयक  गोवा फॉरवर्डचे आमदार विजय सरदेसाय हे  विधानसभेंत सादर करतले.
- थळाव्या संस्थांमदी जापसालदारकी आनी पारदर्शकता घटमूट करपा खातीर कॅग म्हळयार सीएजी राज्य सचीवांची राष्ट्रीय परिशद घडोवन हाडली .
- पणजी म्हापालिका वेंचणूक लागी पाविल्यान उमेदवारांच्या प्रचाराक नेट आयला

गोयचे मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी  होळयेच्या  परबेनीमतान गोयकारांक परबी भेटयल्य त . होळीचे परबे नीमतान समेंस्त गोयकारांचे जीवित सोबीत रंगानी ,खोशयेन आनी सुख समृद्धीन भरू अशे मुखेल्मांत्राय्नी आपल्या संदेशात म्हणला . आयज सकाळी मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हाणी आपले कुटुंब आनी इश्टां वांगडा  एकमेकांक गुलाल लावून होळी मनयली .

मजगती पणजी सयत राज्यांत होळी आनी धुलवड उमेदीन मनयली . वेगवेगळया देवळांनी पारंपारीक धर्मीक विधी करून होळी आनी धुलवड  मनयली. शिगमोत्सवाक  उमेदीन सुरवात जाल्या. पणजेंत काल सोमारा सांजवेळार महालक्ष्मी संस्थान  आनी गुजराती समाजान होलीका लासून परब  मनयली. आज सकाळीं पणजी शिगमोत्सव समितीच्या शिगमोत्सवाची सुरवात धुलवडीन जाली. राज्यसभेचे खासदार सदानंद तनवाडे आनी समितीचे पदाधिकारी हयावेलार हाजीर आशिल्ले.
इतले मजगती सांखळींत रवींद्र भवनान आयोजीत केल्ल्या रंगोत्सव 2.0 होळी कार्यावळीक थळाव्या लोकां सयत  भोंवतणच्या वाथारातल्या लोकांचो व्हड प्रतिसाद मेळ्ळो. मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत ह्या  कार्यावळीत वाटेकार जाले .

पुराय गोया वांगडा आज दक्षिण गोयांतय होळयेची परब उमेदीन मनयली. वेगवेगळया गावातल्या देवळांनी ही परब पारंपारिक रितीन मनयली जाल्यार शारांनी आधुनिक पद्धतीच्या तालार मनयली.
फातोड्डे मडगाव हांगा श्री दामबाब लिंग देवळा मुखार  होळयेची परब पारंपारिक रितीन मनयताना साबार भाविकांनी देव दामोदराक नमन करून उपरांत सगळयांक गुलाल लायलो. फातोड्डेचे आमदार विजय सरदेसाय आणि आदले आमदार दामोदर नायक हे दोगूय जाण थय हाजीर आसले. जांबावले श्री रामनाथ दामोदर देवस्थान, कटो आमोणे हांगा श्री चंद्रेश्वर

देवस्थान, रिवण हांगा श्री विमलेश्वर देवस्थान, काणकोण, फोंडा, सांगे ह्या तालुक्यानीय होळयेची परब उमेदीन मनयली.
मडगाव आणि हेर वाठारांनी आधुनिक पद्धतीन होळी मनयली. ह्या उत्सवात तरनाट्यानी मोठ्या संख्येन वाटो घेतील्लो.

न्हंयांचो सांबाळ आनी प्रदुशणाचेर नियंत्रण दवरपा खातीर गोवा फॉरवर्डचे आमदार विजय सरदेसाय हे  गोंयच्या न्हंयांचो सांबाळ आनी संरक्षण विधेयक  विधानसभेंत सादर करतले. हें विधेयक दाखल करपाची नोटीस तांणी विधीमंडळाक दिल्या.न्हंयांचें आयज व्हडा प्रमाणांत प्रदुशण जाता. ह्या प्रदुशणाक आळो घालपा वांगडाच तांची राखण करपाची गरज आसा. ह्याच हेतान हें विधेयक मांडपाची नोटीस सादर केल्ल्याची म्हायती आमदार विजय सरदेसाय हांणी दिली.
मजगतीं, आरजीचे आमदार विरेश बोरकार हे लेगीत गोंयच्या न्हंयांचें संरक्षण आनी वेवस्थापन विधेयक २०२६ विधानसभेंत मांडटले. उदकाच्या स्रोतांचो सांबाळ करपा वांगडाच ताचें योग्य तरेन वेवस्थापन जावपा खातीर विधेयक मांडपाची तयारी आमदार विरेश बोरकार हांणी चलयल्या.

थळाव्या संस्थांमदी जापसालदारकी आनी पारदर्शकता घटमूट करपा खातीर कॅग म्हळयार सीएजी राज्य सचीवांची राष्ट्रीय परिशद घडोवन हाडली .परिशदेक मार्गदर्शन करतना पंचायती राज मंत्रालयाचे सचीव विवेक भारद्वाज हांणी ही परिशद घडोवन हाडपा खातीरच खातीर कॅगचे उपकार मानले. खरेंच आमकां कळपाक जाय जाल्यार ऑनलायन ऑडिट हो एक मार्ग, आसा आनी ह्या मालावेले सगळे उणाव पयस करपा सयत उपाय काडपाची गरज आसा अशे ताणी म्हणला .आमी आनीक एक येवजण आंखतात, जातुत ग्राम पंचायती सरकाराची कसलीच मजती खेरीज  कसलेच अनुदान वा व्याज अनुदाना खेरीज आपल्या अधिकारातल्या  मालमत्तेत योगदान दितल्यो  अशे तानी स्पष्ट केला .

पणजी म्हापालिका वेंचणूक लागी पाविल्यान उमेदवारांच्या प्रचाराक नेट आयला . पणजी महापालिका वेंचणुकेंत आमी पणजेकार पॅनला वतीन घराघरांनी वचून मतदारांक मेळपाचेर भर दितात. आमच्यो रायबंदरच्यो भेटी पुराय जाल्यात. मळयान ५० टक्के घरांक भेटी दिल्यात. कालच्यान पणजे वाठारांत भेटी घेवप चालू जालां. पॅनेलाचे मुखेली उत्पल पर्रीकार हांणी ही म्हायती दिली. मंगळारा पणजे शिगमोत्सवा निमतान हांगच्या महालक्ष्मी देवळाक भेट दिली. ह्या वेळार तांणी हाजीर आशिल्ल्या वांगडा रंग खेळ्ळो. उपरांत तांणी माध्यमां कडेन संवाद सादलो.  आमी भेट दिल्ल्या सगल्या वाठारांनी कितें ना कितें समस्या आसात.

फाटलीं पांच वर्सां योग्य तरेन कामां जावंक नाशिल्ल्याच्यो कागाळी लोक करतात. रायबंदराच्या मैदाना खातीर संपादीत केल्ले सुवातेच्या शेजराक नगर नियोजन कायद्यांतल्या ३९ अ प्रमाण बदल करपाची शक्यताय आशिल्ल्याचें हांगच्या नागरिकांनी सांगलें, अशें उत्पल पर्रिकार हांणी सांगलें.

गोया सावन कर्नाटकचे दिकेन एलपीजी गॅस घेवन वचपी एक टँकर आज दनपरा पाडी बार्शे रस्त्यार उमथल्ल्यान गोय कर्नाटक मधली येरादारी सुमार तीन वरा विस्कळीत जाली.
आज दनपारा अडेज वरांच्या सुमाराक हो अपघात जालो. मात गॅस लिकेज जावंक नाशिल्ल्यान व्हड अनर्थ जावक ना अशी माहिती उजो पालोवपी दलाच्या अधिकाऱ्यांनी दिली.
सुरक्षेचो उपाय म्हणून ह्या अपघाता उपरांत गोय कर्नाटक महामार्गावेली येरादार दुसऱ्या रस्त्यान वळयली. उपरांत उजो पालोवपी दलाच्या आधारान रस्तो मेकळो केलो अशी माहिती पोलिस अधीक्षक सिद्धांत शिरोडकर हाणी दिली

भारत रानवटी जनावरांच्या संवर्धनांच्या मळार संवसारीक फुडारी म्हूण व्हड अभिमान साम्बळटा अशे उप राष्ट्रपती  सी.पी राधाकृष्णन हांणी आयज संवसारीक रानवटी जिवांच्या दिसा निमतान स्पष्ट केले . हे निमतान ताणी सगळयाक पर्बी भेतायल्यात . संवसारांतले सगळयांत व्हडले रानटी वाग आनी एक शिंगे आशिल्ले गेंदे, तशेच आशियाई हत्तींयाचो आकडो चड आसा आशियाई शींवाच्या राबित्याची भारत हि एकमेव सैमीक सुवात आसा अशें तांणी स्पश्ट केलें. भारताची गिरेस्त जैवविविधताय सांबाळपा खातीरच न्हय तर मुखेल जाती आनी पर्यावरण यंत्रणेची पुनररचणूक करपा खातीर आपल्या वचनबद्धतायची पुष्टी करपाचो उलो ताणी दरेका नागरिकान मारला.

सेन्सस २०२७ , म्हळयार जनगणनेच्या वावराखातीर अधिकाऱ्यांक प्रशिक्षीत करपाचो वावर सुरू जाला. जनगणनेची म्हायती एकठांय करपाचो वावर १६ एप्रिल सावन सुरू जातलो. म्हायती एकठांय करताना कसलोच घोळ जावंचो न्ही तशेंच खरी आनी सारकी म्हायती मेळची हो हेत दवरून सगळया अधिकाऱ्यांचे प्रशिक्षण चालू आसा. पयलेच फावट देशात सेन्ससाचो वावर डिजीटल रुपांत जातलो अशी म्हायती अधिकाऱ्यांनी दिली. पयल्या पांवड्यार ३३ प्रश्नांची प्रस्नावळ मोबायल ॲपावरवी संकलीत करतले. गोंयकारांक स्वतः जावन म्हायती भरपाचो पर्याय १ ते १५ एप्रिल मेरेन उक्तो आसतलो. म्हयन्याभराचे घरांच्या नोंदणेचो वावर १६ एप्रिल ते १५ मे मेरेन चलतलो. आपूण भरील्ली घराब्याची म्हायती वा

सेन्सस अधिकार्यांनी एकठांय केल्ली म्हायती मोबायल **ॲ**पावरवी ओटीपी वापरून नागरीकांनी पळोव येता अशेंय संबंधीत खबरेंत म्हळां.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान३१.9 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २३.३औंश सेल्सिअस नोंद जाला. तशेच मुरगावात चडात चड तापमान ३2.2 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २2.४ औंश सेल्सिअस नोंद जाला तशेच फुडले काय दिस राज्यत हवामान सुकें आसतले.